# 'कोंकणी तियात्र' : 12 ऑगस्टाक परिसंवाद

भांगरभूंय | खबरां मेज

**पणजी :** साहित्य अकादेमी, फा. आग्नेल कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालय, पिलार-गोंय आनी गोवा तियात्र अकादेमी हांच्या जोडपालवान 'कोंकणी तियात्र : काल, आयज आनी फाल्यां' एका दिसाचो परिसंवाद 12 ऑगस्टाक आयोजीत केला. हो परिसंवाद फा. आग्नेल म्हाविद्यालयांतल्या हॅरिटेज सभाघरांत जातलो. ह्या परिसंवादाच्या उक्तावण सुवाळ्याक उद्घाटक म्हूण नामनेचे तियात्रिस्त तोमाझीन कार्दोज, मुखेल सोयरे फा. आग्नेल म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य फा. डॉ. फेड्रीक रोड्रीग्स, मानाचे सोयरे गोवा तियात्र अकादेमी अध्यक्ष अँथनी बार्बोजा, अध्यक्ष म्हूण गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष डॉ. पुर्णानंद च्यारी, प्रास्तावीक उलोवप म्हूण साहित्य अकादेमी कोंकणी सल्लागार मंडळाचे वांगडी झिलू गांवकार, बीजभाशण सेंट झेवीयर म्हाविद्यालय कोंकणी विभागाचे सहाय्यक प्राध्यापक फा. डॉ. लुईस गोम्स, येवकाराचें उलोवप फा. आग्नेल म्हाविद्यालयाची कोंकणी विभाग मुखेली राजश्री सैल हाजीर आसतली.

ह्या परिसंवादांत तीन सत्रां जातली. पयलें सत्र 'कोंकणी तियात्राचो भांगराळो इतिहास' ह्या विशयाचेर सत्र सकाळीं 10.30 ते 11.30 मेरेन जातलें. ह्या सत्राचे अध्यक्षपद फा. लुईस गोम्स सांबाळटलें. आनी ह्या सत्रांत फा. मिल्टन रोड्रीग्स (कोंकणी तियात्राची सुरवात आनी इतिहास) आनी आग्नेल दे बोरी (कोंकणी तियात्राचो भांगराळो काळ) वांटो घेवन प्रपत्र सादर करतले. दुसरें सत्र कोंकणी 'तियात्रांत बायलांचें आनी हिंदू कलाकारांचें योगदान' ह्या विशयाचेर सत्र दनपरां 12.30 ते 1.30 मेरेन जातलें. ह्या सत्राचे अध्यक्षपद तोमाझीन कार्दोज सांबाळटले. आनी ह्या सत्रांत आंतोनेत डिसोजा (बायल कलाकारांचें योगदान) आनी उषा झरांवकार (हिन्दू कलाकारांचें योगदान) वांटो घेवन प्रपत्र सादर करतली. जेवणा उपरांत जावपी तिसरें सत्र 'कोंकणी तियात्राचो फुडार, प्रस्न आनी आव्हानां' हे सत्र दनपरां 2 ते 3 मेरेन जातलें. ह्या सत्रांत झिलू गांवकार अध्यक्षपद सांबाळटले. आनी सत्रांत विश्वप्रताप पवार (कला अकादेमीची तियात्र सत) आनी फावुस्तो डिकोस्टा (तियात्राच्या मुखार आशिल्लीं आव्हानां आनी प्रस्न) वांटो घेवन प्रपत्र सादर करतले. ह्या परिसंवादाक साहित्यीकांनी, लेखकांनी, विद्यार्थ्यांनी, शिक्षकांनी वांटेकार जावचें अशें फा. आग्नेल म्हाविद्यालया वतीन कळीत केला.